प्रादेशिक खबरो  २३०९२०२५ @ ७.20 pm

All india institute of Ayurveda हांगा 10 वि  आर्युवेद दीस कार्यावळ जाली

गोंय सरकारान विवीध सुधारणा आनी लोकां खातीर सुरू केल्ल्या नाविन्यपूर्ण उपक्रमां खातीर वट्ट ७ ‘स्कॉच पुरस्कार’  मेळयल्यात

गोंय विधानसभेच्या सभापती पदाचेर सांवड्डेचो आमदार गणेश गांवकार भाजपाचो उमेदवार म्हूण अधिकृतपणान  आयज जाहीर केला.

शिरोडा भलायकी केंद्रान स्वस्थ नारी साशकत परिवार अभियाना खाला वेगवेगळे भलायकी तपासणी शिबिरां आयोजीत केल्यात.

रश्मी  200

गोंय राज्यात wellness tourism चे केंद्र जावपाची पुराय ताक आसा अशे मत गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी व्यक्त केला.ते पेडण्या धारगळे All india institute of Ayurveda हांगा आयोजीत 10 व्या आर्युवेदा दीसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.आर्युवेदाचे महत्व आता संसारभर ज्ञात आसा. जाल्यार देशात गांवगीऱ्या वाठारासयत आता शारानुय लोक आर्युवेदा उपचार पद्धतीक आपणवपाक लागल्यात अशे NSSO न केल्ल्या सर्वेक्षणातल्यात स्पश्ट जाला अशे तांणी म्हणला.
Byte- governor
केंद्रीय आयुश राज्यमंत्री मंत्री प्रतापराव जाधव हांणी ह्यावेळार म्हणले की Ayush visa, heal in india अशा पद्धतीन भारताक आर्युवेदाच्या माध्यमातल्यान global welness केंद्र करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान काम सुरू केला. एआयआयए, आयुष मंत्रालय आणि टाटा हॉस्पिटल हांचेमदी एकात्मिक ऑन्कोलॉजी संशोधन आणि जतनाय ह्यावेल्या त्रिपक्षीय समजी कायेच्या कबलातीचेर सय जाली. या वेळार उलयताना, राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव यांनी आयुर्वेद शिक्षणा खातीर जागतिक दर्जाची संस्था स्थापन करपाक भारत सरकारन केल्या प्रयत्नांचे कौतुक केले. Byte जाधव

जाल्यार गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आर्युवेदाक आता अच्छे दीन आयल्यात अशे म्हणला. धारगळे All india instituteच्या विस्तारीकरणा खातीर आनीक सुवात दीवपाच्या प्रस्तावाचेर गोंय सरकार विचार करतली अशे आस्वासन तांणी दील्या.
byte cmआयुष

आर्युवेदा उपचार पद्धतीन एक सशक्त पीढीच्या माध्यमातल्यान समृद्ध भारताची ताकदवान पिळगी घडोवपाची ताक आसा अशे ह्यावेळार केंद्रीय राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक उलयले byte श्रीपाद

ह्यावेळार आर्युवेदाचे वीवीध उत्पादना,उपचार पद्धतीची म्हायती दीवपी दालनांचे प्रदर्शन आयोजीत केल्ले. तशेंच राश्टीय धन्वंतरी आर्युवेदा पुरस्काराचे वितरण ह्यिवेळार जाले .हे शिवाय आर्युवेदा उपचार पद्धतीच्या नव्या विभागांचे डीजीटल माध्यमातल्यान उक्तावण,तशेंच पुस्तकाचे ह्यावेळार विमोचन जाले.

गणेश 90

गोंय सरकारान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या नेतृत्वा खाला विवीध सुधारणा आनी लोकां खातीर सुरू केल्ल्या नाविन्यपूर्ण उपक्रमां खातीर वट्ट ७ 'स्कॉच पुरस्कार' मेळयल्यात. एका स्वतंत्र आनी परिणाम आदारीत मुल्यांकन प्रक्रिये उपरांत हे पुरस्कार भेटयतात, हाका लागून गोंयच्या प्रशासकीय कामाक राष्ट्रीय पांवड्यार एक वळख मेळ्ळया. ह्या पुरस्कारांत विवीध सरकारी विभागांच्या नव्या कामांचो भोवमान केला. हातूंत अर्थ खात्याच्या 'डेटा एनालिटिकल फाटो जाल्यार गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळाचो आसपाव आसा. तशेंच खेळां आनी युवा वेव्हार खात्याच्या 'खेलो गोवा सेंटर्स'क, बायलां आनी बाल विकास विभागाच्या 'अंगणवाड्यां वरवीं बाळकांचें पोशण सुदारप' ह्या उपक्रमाचो आसपाव आसा.

## गणेश 50

गोंय विधानसभेच्या सभापती पदाचेर सांवड्डेचो आमदार गणेश गांवकार भाजपाचो उमेदवार म्हूण अधिकृतपणान आयज जाहीर केला. गणेश गांवकारान आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत, मंत्रीमंडळ, आनी जायते आमदार हांच्या हाजिरेंत उमेदवारी अर्ज दाखल केलो. मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी हे वेळार आपली प्रतिक्रिया दिली byte cm स्पीकर

प्रसाद 65

शिरोडा भलायकी केंद्रान स्वस्थ नारी साशकत परिवार अभियाना खाला वेगवेगळे भलायकी तपासणी शिबिरां आयोजीत केल्यात. हें शिबिर शिरोडा मतदारसंघांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी जातलें फाल्या बुधवारा 24 तारखेक हें शिबिर बेतोडा पंचायत वाठारांतल्या निरंकाल भलायकी केंद्रांत जातलें. तशेंच हें शिबिर बिरेस्तार 25 तारखेक बोरीच्या भलायकी केंद्रांत आनी शिरोडाच्या भलायकी केंद्रांत जातलें. पंचवाडीत 26 तारखेक हें शिबिर आयोजीत केलां अशे शिरोडा भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी डॉ. सीमा पै फोंडेकर हाणी कळीत केला

साखळी 20

साखळी बाजारात दुकानाक लागील्या उज्याचे घडनुकेची चवकशी करपाक मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी भेट दिली byte cm साखळी FIRE

प्रसाद 170

राष्ट्रीय न्यायवैद्यक विज्ञान विद्यापीठ गोवा कॅम्पस कुर्टी फोंडा हांच्या वतीनं 24मार्च 2025 ते 23सप्टेंबर मरेन पयलो सायबर कमांडो प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजित केल्लो. ह्या कर्यावळीच्या समारोप समारोप सुवाळ्यक गोय पोलिसचे पुलीस महासंचालक आय पी एस अधिकारी आलोक कुमार मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर आशिल्ले. ह्या वेळार उप कमांडंट कांडले गौथम कुमार, राष्ट्रीय न्यायवैद्यक विज्ञान विद्यापीठ गोवा कॅम्पसचे कॅम्पस संचालक प्रोफेसर.डॉ.नवीन कुमार चौधरी हाजिर आशिल्ले. ह्या वेळार प्रोफेसर.डॉ.नवीन कुमार चौधरी हाणी येवकराचे उलोवप केले.ह्या वेळार उलयताना उप कमांडंट कांडले गौथम कुमार हाणी सायबर धमकी आनी हल्लो हांका जाप दिवपा खातीर सायबर कमांडो प्रशिक्षण कार्यक्रम तयार केल्लो. आणि ह्या उपक्रमातल्यान ही पयली सायबर कमांडोची तुकडी देश सेवेक तयार जाल्या अशे म्हळे.

मुखेलं सोयरे गोय पोलिसचे पुलीस महासंचालक आलोक कुमार हाणी आपल्या उलोवपात आज सवसारात सायबर गुन्यावात भरपूर वाढ जाल्या. सायबर सेक्युरीटी हो एक व्हडलो विषय आसा.आज सायबर क्षेत्र बंद पडल्यार वा सायबर हल्लो जाल्यार पुराय जग बंद पडपाची भिरांत निर्माण जाता . देखून सायबर सेक्युरिटी घटमुट करपाक हो सायबर

कमांडो प्रशिक्षण कार्यक्रम भोव महत्त्वाचो जावन आसा अशें म्हळे.ह्या वेळार अभ्यासक्रम पुराय केल्ल्या सायबर कमांडोक प्रशस्ती पत्रा भेटयली

सुभाष 110

दिव्यांग वा खासा तांकीच्या विद्यार्थ्यां खातीर सुरू केल्ले खाशेले येवजणे खाला गोंय सरकार ह्या विद्यार्थ्यांक बरे शिक्षणीक सुविधा दिवपा खातीर शिश्यवृत्ती दिता. ही एवजण २०१८ वर्सा सावन सुरू आसा. ह्या शिश्यवृत्ती येवजणेखाला पुस्तकां खातीर म्हयन्याक देड हजार रुपया, शिक्षणीक येरादारी खातीर म्हयन्याक साडे पाचशें आनी वैजकी खर्चा खातीर दर तीन वर्सांनी एक फावट १० हजार रुपया मेळटात. दिव्यांग वा खाशेल्या तांकीच्या विद्यार्थ्यां खातीरच्या हे येवजणेचे शिश्यवृत्ती अर्ज सीएम शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर उपलब्ध आसात आनी हे अर्ज २०२५/२६ वर्साच्या पयल्या सत्रा खातीर ३० ऑक्टोबर मेरेन आनी वर्साच्या दुसऱ्या सत्रा खातीर ३० एप्रील मेरेन भरून सादर करचे अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी मांगलां. राज्यांतल्या दिव्यांग वा खाशेल्या तांकीच्या विद्यार्थ्यांनी हे येवजणेचो लाव घेवचो अशें आवाहन तांणी केलां.

**रश्मि 70**

vocal for local वरवी गोंयच्या वेगवगळ्या वाठारांनी खासा कार्यावळीचे आयोजन केला. दीवचले, बार्देश,पेडणे,केपे,काणकोण,मडगांव,फोंडा, तीसवाडी हांगा vocal for local वरवी कार्यावळ जातली. अशी म्हायती भाजप युवा मोर्चाची अध्यक्षा सुवर्णा तेंडुलकार हांणी दील्या. ह्यावेळार भाजपाची फुडारी अनीता थोरात हाजीर आशील्ली. स्वदेशी वस्तु वापरपाक गोंयकारांनी प्राधान्य दीवचे अशे तांणी म्हणला. स्वदेशी वस्तुंच्या उत्पादनाक बाजारपेठ मेळची तशेंच बायलांक आत्मनिर्भर करपाच्या नदरेतल्यान ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती ह्यावेळार भाजपाची उपाध्यक्ष कुंदा चोडणकार हांणी दील्या.

35

ही आसा एक कळोवणी - आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साधचो.

स्पोर्ट्स 20

सध्याची फिडे बायलांच्या विश्वचषक चॅम्पियन ग्रॅण्डमास्टर दिव्या देशमुखाक आगामी फिडे विश्वचषक 2025 खातीर वाइल्ड कार्ड एंट्री दिल्या.ही सर्त 31 ऑक्टोबर सावन गोंयांत जातली.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता